# नुस्तेमारी वेवसायिकांखातीर आर्थीक मदत येवजणो

ता. 13 ऑक्टोबर 2017
21 आश्विन 1939

गोंय सकाराच्या नुस्तेमारी खात्यावतीन नुस्तेमारी वेवसायिकांच्या फायद्याखातीर अनेक आर्थीक मदत येवजणांची अंमलबजावणी करतात. बर्फ बॉक्सासयत ऑटोरिक्षा खरेदी करपाक, दर्यातली सुरक्षा यंत्रणा (जीपीएस, संपर्क यंत्रणा, लाईफजॅकेट, लाईफबोयो, बॅकअप बॅटरी, बिकॉन आदी) खरेदी करपाक ,बर्फ प्लांट, कोल्ड स्टोरेज बांदपाक, पंचायत, नगरपालिका वाठारात फिश मार्केट बांदपाक वा दुरूस्ती करपाक, नुस्त्याचेर प्रक्रिया करपाक यंत्रणा उबारपाक आर्थीक मदत दितात.

इत्सूकांनी अर्ज आनी चड माहितीखातीर नुस्तेमारी संचालनालय, पणजी फोन न. (0832)2425263/2224838 वा ईमेल dir-fish.goa@nic.in संपर्क करचो.

तशेंच येवजणांचे अर्ज सगळ्यां नुस्तेमारी खात्याच्या जेटीचेर, गट विकास कार्यालयात उपलब्ध आसात.

वयल्या येवजणाखाला पयली येवप्याक पयली तत्वाचेर निधी उपलब्ध आसा ते प्रमाण आर्थीक मदत मंजूर करतले.